14.10.2025 ७.20 pm

फोंडा नगरपालिकेच्या नव्यान बांदिल्ल्या प्रशासकीय इमारतीचें आयज नगर नियोजन मंत्री विश्वजीत राणे हांणी  उक्तावण केलें.

नामनेचे खेळ तियात्रिस्त रुजारियो रॉड्रीगीस हांच्या उगडासाक दिवपी खेळ तियात्र पुरस्कार अंदू वर्सा मारिया क्लेफी गोम्स आनी मेक्सी परेरा हांकां जाहीर जाल्यात.
राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (एनईपी) चालीक लावपा खातीर म्हाविद्यालयांक एकठांय करून क्लस्टर विद्यापीठ थापणूक करपाचो प्रस्ताव आसा.

मडगावच्या रवींद्र भवनाचे मुखेल सभाघर आनी ब्लॅकबॉक्स सभाघराचे दुरुस्तीचे काम  ३० ऑक्टोबर मेरेन हे काम पुराय जातले अशी म्हायती भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी दिली

<u>प्रसाद 150</u>

फोंडा नगरपालिकेच्या नव्यान बांदिल्ल्या प्रशासकीय इमारतीचें आयज नगर नियोजन मंत्री विश्वजीत राणे हांणी मुखेल सोयरो म्हूण उक्तावण केलें. ह्या वेळार फोंडा नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष आनंद नायक, उपनगराध्यक्ष दीपा कोलवेकार, नगरसेवक रितेश नायक आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार उलयतना मंत्री राणे हांणी गोंयांत खूब उदरगत जाल्या आनी सरकार वेगवेगळे उदरगतीचे काम चालीक लायता. केंद्र सरकारा कडल्यान चडांत चड निधी हाडून तो बऱ्या उदरगतीच्या वावराक वापरचो आनी आयचे तरणाटे पिळगेक आणि जनतेक विश्वासात घेऊन उदरगतीचे काम मुखार व्हरचें अशें तांणी दरेका आमदार आनी मंत्र्याक आवाहन केलें. गोंय हें ल्हान राज्य आनी आमकां जाग्याचो उणाव आसा, पूण ताचे तुळेन राज्यांत खूब उदरगत जाल्या अशेंय तांणी सांगलें. तशेंच मंत्री रवी नायक हांणी फोंडा मतदारसंघाची खूब उदरगत केल्या आनी ताच्या दूरदृष्टीक लागून ह्या वाठारांत जायते कल्याणकारी प्रकल्प उभे रावल्यात अशें तांणी सांगलें. आयज तांणी दरेका नगरसेवकाक आपले वॉर्ड विकसीत करतना कोयर नियोजन आनी प्लास्टीक मुक्त वाठार करपाचो यत्न करचो अशें आवाहन केलें. नगराध्यक्ष आनंद नायक हांणी येवकार दिवन वळख करून दिली.

सुशांत 100

नामनेचे खेळ तियात्रिस्त रुजारियो रॉड्रीगीस हांच्या उगडासाक गोंय तियात्र अकादमीवतीन दिवपी खेळ तियात्र पुरस्कार अंदू वर्सा मारिया क्लेफी गोम्स आनी मेक्सी परेरा हांकां जाहीर जाल्यात. खेळ तियात्राच्या मळार मोलाची कामगिरी केल्ल्या दोन म्हालगड्या तियात्रिस्तांक हो पुरस्कार दिवन भौमानीत करतात. २४ आक्टोबराक मडगावच्या रवींद्र भवनात जावपी एका सुवाळ्यात हे पुरस्कार भेटयतले.मारिया क्लेफी गोम्स हांकां तियात्र माचयेर क्लेफी या नावान वळखतात. फाटली ४० वर्सां ती तियात्रात काम करता. तियात्रात काम करपा वांगडाच ती एक बरी गायिका तांची जायती गीतां आकाशवाणीचेर प्रसारित जाल्यात. मेक्सी परेरा हांकां तियात्र मळाचेर नामनेचे लेखक आनी दिग्दर्शक म्हूण वळखतात. तांणी स्वत: शंभरावयर खेळ तियात्रात काम केला जाल्यार १८ तियात्र बरोवन माचयेर सादर केल्यात.

गणेश 110

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (एनईपी) चालीक लावपा खातीर म्हाविद्यालयांक एकठांय करून क्लस्टर विद्यापीठ थापणूक करपाचो प्रस्ताव आसा. हे खातीर सरकारान भौशीक विद्यापीठ विधेयक सभाघरांत सादर केले. ह्या विधेयकाच्या अभ्यासा खातीर स्थापन केल्ले चिकित्सा समितीची पयली बसका 22 ऑक्टोबराक जातली. राज्याच्या उच्च शिक्षणांत म्हत्वाचे बदल करपाची तरतूद ह्या विधेयकांत आसा. हाका लागून सगळ्यांचें लक्ष चिकित्सा समितीचे बसकेचेर आसा. एकाच विद्यार्थ्याक एका परस चड विशयांत पदवी मेळोवप शक्य जावप हे खातीर म्हाविद्यालयांक एकठांय करून क्लस्टर विद्यापीठ थापणूक करपाचो प्रस्ताव आसा. हाका लागून म्हाविद्यालयांक स्वताचो अभ्यासक्रम तयार करुन परिक्षा घेवपाक मेळटल्यो. तशेंच निकाल लेगीत म्हाविद्यालयाच जाहीर करतले. हे खातीर गोंय भौशीक विद्यापीठ विधेयक सरकारान पावसाळी अधिवेशनांत मांडलें. विरोधकांनी मागणी केले उपरांत विधेयक चिकित्सा समिती कडेन धाडपाचें थारायलें.

प्रसाद 80

संत समाज फोंडाच्या प्रेरणेन 'तपोभूमि कॅलेंडर 2026 आणि उटणे वितरण सुवाळो' श्री महालक्ष्मी, बडोंडा हांगा जालो. या सुवाळ्याक वीज मंत्री आनी मडकई मतदारसंघाचे आमदार सुदिन ढवळीकार हाजिर आशिले. ह्या वेळार मंत्री ढवळीकार हांणी आपल्या उलोवपांत , तपोभूमि वरवीं समाजांत श्रद्धा, सेवा आनी साधना हांचीं मुल्यां घटमूट जावपाक लागल्यात, समाजांत संस्कृताय जागृत करपाचो आनी रुजोवपाचो हो वावर आदर्श जावपाक लागला." अशें म्हळे.ह्या काऱ्यक्रमांत जिल्लो पंचायत वांगडी गणपत नायक, प्रिया च्यारी, दामोदर नायक आनी सरपंच आनी पंच, भक्त आनी थळावे हाजीर आशिल्ले.

सुशांत 90

भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री आनी मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांणी आयज मडगावा लोकांची गाऱ्हाणी आयकून घेतली. ह्यावेळार मडगावचे व्यापारी, नागरीक आनी हेरांनी तांच्यामुखार आपल्यो अडचणी मांडल्यो. मडगावच्या नगरपालिका सभागृहात हो आयज जनता दरबार जालो.मडगावच्या स्टेशन रोड वाठारात बेकायदेशीर भाजेची विक्री जाता ती बंद करची. पिंपळा पेडावयली सुवात फकत सोमारा नाल्ल विकपाखातीर उक्ती दवरची. तसेच बाजारकरांच्या सुरक्षेखातीर सीसीटीव्ही कॅमेरे बसोवचे अशी मागणी व्यापाऱ्यांनी केली. मडगावचो रावणफोंड रेल्वे पूल रस्तो सध्या प्रवासी येरादारीखातीर बंद दवरला. तो बेगोबेग उक्तो करचो. तसेच कदंब बस स्थानकावयल्या गाडेवाल्यांचे स्थलांतर करचे अशी मागणी दिगंबर कामत हांचेकडेन केली.

सुशांत 110

मडगावच्या रवींद्र भवनाचे मुखेल सभाघर आनी ब्लॅकबॉक्स सभाघराचे दुरुस्तीचे काम पुराय जावक आयला. ३० ऑक्टोबर मेरेन हे काम पुराय जातले अशी म्हायती भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी दिली. हे काम पुराय जाल्या उपरांत नोवेंबर म्हयन्याच्या पयल्या सप्तकात ही दोनूय सभाघरां लोकांखातीर उक्ती जातली अशें तांणी सांगलें. पावसाचे उदक भितर सरिल्ल्यान ह्या दोनूय सभाघरांची पाश्टा पेड्यार जाल्लीं. ते उपरांत भौशीक बांदकाम खात्यान ह्या दोनूय सभाघराचे दुरुस्तीचे काम हातात घेतिल्ले. हे काम थारायिल्ले प्रमाण पुराय जायत आयला. ह्या कामाचेर देखरेख दवरपा खातीर एक खासा समिती नेमिल्ली. ह्या

समितीकडे रवींद्र भवन पदाधिकारी समन्वय सादून आसात अशी म्हायती रवींद्र भवनचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक हांणी दिली. ह्या कामाचो आढावो घेवपा खातीर १६ ओक्टोबराक तियात्र कलाकारांवांगडा एक बसका आपयल्या अशें तालक हांणी सांगलें.

35

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोंकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

DIP 170

देशांत दर वर्सा 12 ऑक्टोबराक “माहिती हक्क दीस” मनयतात ह्या दिसा देशांत “माहिती हक्क कायदो 2005” अमलात आयलो. म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयान गोंय राज्य माहिती आयोगाच्या सहकार्यान ता. 15 ऑक्टोबर क ओल्ड गोवा रेजिडन्सी, ओल्ड गोवा हांगा सगळ्यो ग्रामपंचायती आनी नगरपालिकांच्या भौशीक म्हायती अधिकारी आनी अपेलेट अधिकाऱ्यांक म्हायती हक्क कायद्याची म्हायती करून दिवपा खातीर विशेश कार्यावळीचें आयोजन केला.

“प्रशासनात पारदर्शकता आनी जापसालदारकी हाडपा खातीर म्हायती हक्क कायदो हो सामान्य नागरिकांच्या हातांतले एक शस्त्र जावन आसा. देशातल्या प्रत्येक नागरिकांक भौशीक प्रशासनातल्या वेव्हाराविशी जाणून वपाचो अधिकार आसा.

मागिल्ली म्हायती बेगीनात बेगीनवा तीस दिसांच्या काळाभितर दिवप आवश्यक आसा. जर एखाद्या अर्जदाराच्या बाबतीत जीण आनी स्वातंत्र्य धोक्यात आसल्यार मागिल्ली म्हायती 48 वरां भितर दिवपाची तजवीज कायद्यात आसा.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या गतिमान फुडारपाणाखाला म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्यान मार्च 2023 त गोंयांत ऑनलायन आरटीआय पोर्टल सुरू केलो. पोर्टला वयल्यान ऑनलायन प्रक्रिये वरवीं आवश्यक म्हायती

मेळोवपाक नागरिकांक मजत जाता. म्हायती अधिकार अर्ज आनी पयलो अपील अर्ज दाखल करपाक लेगीत ऑनलायन पोर्टलाची सुरुवात केल्या. ही सुविधा उपलब्ध करून गोंय सरकारान पारदर्शकता आनी डिजिटल मळार सुरू केल्ले एक क्रांतिकारी पावलआसा.

DIP 90

खेळ आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालय, 69व्या राष्ट्रीय शालेय खेळां सर्तीक गोंय राज्य पंगडांची निवड करपा खातीर 14 वर्सां सकयल्या भुरग्यां खातीर तायक्वोंडोंत निवड चांचण्यो करतले.निवड चांचण्यो 16 ऑक्टोबर सकाळीं 9.30 ते 10.30 मेरेन पणजेच्या इंडोर हॉलांत जातली. हाचे खातीर प्रभारी एस. आंतोनेतां पिंटो, मोबायल क्रमांक 9822481805 आनी तुलसीदास देसाई, मोबायल क्रमांक 9923500519 हांचे कडे संपर्क साधचो. 14 वर्सां सकयल्या भुरग्यां खातीर पात्रताय अशी आसा की खेळगडे 01 जानेवारी २०१२ वा ताचे उपरांत जल्मल्ले आसूंक जाय. वेंचून काडिल्ल्या खेळगड्यांक पात्रताय अर्जा वांगडा दोतोरा कडल्यान पिराय सत्यापन चांचणी प्रमाणपत्र सादर करचें पडटलें.

DIP 80

गोंय विद्यापीठ 17 ऑक्टोबरक दनपारां 3.00 वरांचेर आंतर विद्यापीठ फुटबॉल चॅम्पियनशिप 2025-26 आनी खेलो इंडिया विद्यापीठ सर्ती खातीर बायलां फुटबॉल पंगडा खातीर निवड चांचण्यो घेतले.चांचण्यांनी वांटो घेवपाची इत्सा आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांनी कॉलेजीचे आयडी, आधार कार्ड, जल्म प्रमाणपत्र आनी खेळपाची किट घेवन दनपारां 2.30 वरांचेर गोंय विद्यापिठाच्या खेळां विभागाकडे येवचे. म्हाविद्यालयांक विनवनी केल्या की ह्या तारखेत तांचो खंयचोय बायलां फुटबॉल खेळगडो निवडी खातीर उपलब्ध ना जाल्यार तांचो गैरहाजेरीचें कारण सांगले जाल्यार तांकां निवडी खातीर विचार करतले. खेळां खात्याक sports@unigoa.ac.in ह्या ईमेलाचेर कळोवचे

वेदर 60

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 33.5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २४.८ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता . भारतीय हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण आंध्र प्रदेश, छत्तीसगड, केरळ, माहे, कोंकण, गोंय,

महाराष्ट्र, ओडिशा, दक्षिण आंतराश्ट्रीय कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी, हांगा कांय सुवातींनी वीज आनी वादळी वारें वांगडा गडगड जावपाची शक्यताय आसा.